**<u>सोसायटीखाला नोंदणी जाल्ल्या कंत्राटी कामगारांक  नेमणूक पत्रां भेटयली</u>**

ता. 29 जून 2020

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी आयज पेडण्या आयोजीत कार्यक्रमात भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगांर पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्ल्या कंत्राटी कामगारांक नेमणूक/नोंदणी पत्रां भेटयली. कंत्राटदार वा कंत्राट कंपनीखाला काम करपी कामगारांची आतां भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगार पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्या.

कार्यक्रमाक भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक पावसकार आनी आमदार आनी गोंय पर्यटन विकास महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दयानंद सोपटे, पेडणेच्यो नगराध्यक्षा श्रीमती स्वेता कांबळी, आदल्यो नगराध्यक्षा श्रीमती उषा नागवेकर हजर आशिल्ल्यो

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगांर पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्ल्या कंत्राटी कामगारांचे अभिनंदन केले आनी कामगारांची मागणी लक्षांत घेवन सरकारान तांची भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगार पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी करपाचो निर्णय घेतला म्हणपाचे सांगले. तांणी कमगारांक आपल्या क्षेत्रात समर्पितपणान सेवा दिवपाक सांगले.

कंत्राटदार वा कंत्राट कंपनीखाला भौशीक बांदकाम खात्यात फाटली 10 ते 12 वर्सा काम करपी कामगारांची भौशीक बांदकाम खात्याच्या कामगार पुरवण सोसायटीखाला नोंदणी जाल्ल्यान ह्या कामगारांक आतां रजा आनी वैजकीय सुविधांचो लाभ मेळटलो अशें भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक पावसकार हांणी सांगले. तशेंच तांणी पेडणे वाठाराच्या विकासाखातीर सहकार्य करपाचे उतर दिले.

श्री. दयानंद सोपटे हांणी लोकांच्यो समस्यां सोडोवपा खातीर कामगारांनी आपली सेवा दिवपाची मागणी केली.

श्री. संतोष मळीक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी श्रीमती उषा नागवेकर हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/346

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA